कोलकातात चोरबागानांत घडिल्ल्या दुर्दैवी घडणुकेच्या फाटभुयेर, कोलकाता पोलिसांनी सेंट्रल अव्हेन्यू संयत चोरबागान परिसराच्या भोंवतणीच्या व्हडल्या वाठारांत, फुडल्या तीन दिसांखातीर भारतीय नागरिक सुरक्षा संहिता (BNSS) च्या कलम 163 खाला प्रतिबंधात्मक आदेश लागू केल्यात. पांच वा ताचेपरस चड लोकांनी एकठांय येवपाचेर, मिरवणुको काडपाचेर, सार्वजनिक सभा घेवंपाचेर आनी धोकादायक शस्त्रां बाळगुपचेर बंदी घाल्या. कायदो आनी सुव्यवस्थेची समस्या निर्माण जावपाची शक्यता आशिल्ल्याची गुप्तचर यंत्रणेकडल्यान म्हायती मेळ्ळया उपरांत हो निर्णय घेतल्याचें पुलिसांनी सांगलें.

मजगतीं गिरीश पार्क पुलिसांनी केस नोंद करून चोरबागान घडणुकेचें कारण सोदून काडपा खातीर आनी जापसालदारकी निश्चित करपा खातीर चवकशी सुरू केल्या. मजगतीं कोलकाता पुलिसांनी चोरबागान सरबोजोनीन दुर्गोत्सब समिती दुर्गापूजा पंडालांत जाल्ल्या चेंगराचेंगरीच्या घडनूकेच्या संबंधात आयज सात जाणांक अटक केल्या.

ओडिशाचे नवनियुक्त राज्यपाल ब्रज मोहन राम यांनी आज भुवनेश्वरांतल्या लोकभवनांत आयोजित सुवाळ्यात पद आणि गोपनीयतेचो सोपूत घेतलो. ओडिशा उच्च न्यायालयाचे मुख्य न्यायमूर्ती हरीश टंडन यांनी तांका सोपूत दिलो. ह्या वेळार मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी, केंद्रीय मंत्री जुएल ओराम, ओडिशा विधानसभेच्यो अध्यक्षा सुरामा पाधी, मंत्रिमंडळातले वांगडी आणि राज्य सरकारचे वरिष्ठ अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

बेल्जियम, फ्रांस, इटली आनी पोर्तुगाल ह्या देशांनी शेंकड्यांनी लोकांनी रस्त्यार येवन वाडती महागाय, उणें पगार आनी परवडपी घरां मेळपाक वाडट्या अडचणीचो निशेध केला. ह्या निदर्शनांक लागून युरोपीय युनियनल्या सगळ्या सरकारांचेर दबाव आयला. फ्रान्सांत व्हड प्रमाणांत अशांतता दिसून आयली. गृह मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, साडे पाच लाख परस चड लोकांनी ह्या निदर्शनांनी वांटो घेतलो. विद्यार्थ्यांच्या कित्येक आठवड्यांच्या निदर्शनां उपरांत सुरू जाल्ली हीं आंदोलनां तीव्र जाली आनी

मुखवटे घाल्ल्या आंदोलकांच्या गटांनी दुकानां, ऐतिहासिक सार्वजनिक इमारती आनी पोलिसांच्या वाहनांक लक्ष्य केलें. ह्या वेळार व्हड प्रमाणांत लूटमार आनी जाळपोळीचे प्रकार घडले. ह्या हिंसाचारांत वांटो घेवपी लोकां आड कारवाय करपाचें उतर राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉ हांणी दिलां.

बेल्जियममांतय ब्रसल्स आनी लीज हांगा आंदोलकांक नियंत्रणांत दवरपाखातीर पोलिसांनी अश्रुधुर आनी वॉटर कॅननचो वापर केलो. दुसरेकडेन, पोर्तुगालाची राजधानी लिस्बन हांगा हजारांनी लोकांनी वाडटी महागाय, उणे वेतन आनी घरांच्या वाढत्या दरांच्या विरोधांत निदर्शनां केली.इटलींत, मिलान शारांत युद्धां आनी वाडट्या महागायीच्या विरोधांत काडिल्ल्या निदर्शनांक हिंसक वळण आयले. आंदोलक आनी पोलिसां मदीं झटापटी जाल्यो, दुकानांची लूटमार केली आनी barricadeक उजो लायलो.

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान (FSSAI) ready-to-drink दुग्धजन्य पेयांच्या दिशाभूल करपी लेबलिंग आनी जाहिराती केल्याच्या आरोपांवेल्यान नामनेच्या उत्पादक कंपन्यांक नोटिसो धाडल्यात. समाजमाध्यमांचेर दिल्ल्या निवेदनांत नियामक संस्थेन सांगलें की, उत्पादनांच्या पॅकेजिंगाचेर दिल्ल्या म्हायतींत आनी ऑनलायन जाहिरातींनी दाखयल्ल्या म्हायतींत विसंगती दिसून आयल्या. खास करून, coffee-flavoured दुधाच्या पेयांच्या बाबतींत ही विसंगती आढळली. ह्या उत्पादनांच्या पॅकेजिंगाच्या मुखेल भागाचेर “Flavoured Milk” अशें लेबल आसता, पूण फाटल्या भागाचेर तांकां “Proprietary Food” ह्या वर्गांत दाखयलां.

FSSAI च्या म्हणण्या प्रमाण, हीं उत्पादनां प्रमाणित “Flavoured Milk” ह्या वर्गांत येतात. तशेंच, अन्नपदार्थांच्या लेबलिंग आनी जाहिरातींविषयक नियमांचें उल्लंघन जाल्लयाचे निदर्शनाक हाडलें. अन्न सुरक्षा आनी मानक कायदो, 2006 खाला कारवाय कित्याक सुरू करची न्हय तें स्पश्ट करपाक उत्पादकांक सांगलां. नियमांचें पालन न करपी जाहिराती बंद करप आनी तांच्या जाग्यार सुधारित जाहिराती जारी करप हांचोय फुडल्या कारवायेंत आसपाव जावंक शकता.

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज रायपूरांतल्या शहीद वीर नारायण सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत भारत आनी झिंबाब्वे मजगती दुसरी टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅच जातली. भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

भारतीय हवामान खात्यान आज आंध्र प्रदेशाच्या दर्यादेगेवेल्या वाटरनी खातीर मुसळधार पावसाचो 'रेड अलर्ट' जारी केला.तशेंच फाल्यां मेरेन केरळ, माहे, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, आनी लक्षद्वीपात फाल्यां मेरेन गडगड आनी जोगला मारपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.